११-०८-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

प्रधानमंत्री - ऑपरेशन सिंदूर

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ऑपरेशन सिंदूरच्या यसाचे श्रेय आर्विल्ले तंत्रगिज्ञान आनी संरक्षण उत्पादनातल्या मेक इन इंडिया उपक्रमाक दिला. बेंगळुरूत एका सभेत प्रधानमंत्री मोदी उलयताले. देशाच्या सशस्त्र दळांनी शीमपलतडचे आतंकवादी तळ नश्ट केले आनी पूराय संवसारान नवो भारत पळयलो. तंत्रगिज्ञानात चड स्वावलंबनाचे आवाहन करताना, प्रधानमंत्र्यांनी "शून्य दोष, शून्य परिणाम" ह्या उत्पादन मानकांचेर भर दिला. बेंगळुरून भारताक संवसारीक आयटी नकाशाचेर हाडले आनी आता, विकसित भारताचे सपन पूराय करपाखातीर उदेन्मुख तंत्रगिज्ञान आनी उत्पादनात फुडारपण करपाक जाय अशें म्हळे. प्रधानमंत्र्यांनी बेंगळुरूक "नव्या भारताच्या उदयाचे प्रतीक" अशें म्हळा. ते तात्विक दायजाक तांत्रिक कौशल्याकडेन जोडता अशेंय तांणी सांगले. तांणी कर्नाटकाच्या प्रतिभेचे, खासा करुन बेंगळुरूच्या तरनाट्यांचे, आयटी ते संरक्षण उत्पादन ह्या क्षेत्रातल्या देशाच्या उदरगतीत तांच्या भूमिकेविशी तांची तोखणाय केली. प्रधानमंत्र्यांनी भारतातल्या मुळाव्या सुविधांच्या जलद उदरगतीचेर उजवाड घालो. हातूंत २४ शारांनी पसरील्ले मेट्रो नेटवर्क, २०१४ सावन विमानतळांची संख्या दुपेटीन करप, ४० हजार किलोमीटरपरसचड रेल्वे मार्गांचे विद्युतीकरण आनी इलेक्ट्रॉनिक्स, ऑटोमोबाईल आनी मोबाईल फोन निर्यातीत वाड करप, हांचो आस्पाव आसा.

## मोदी - मेट्रो - 110

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भारतीयांच्या सक्रिय फाटबळान २०४७ मेरेन विकसित भारत शक्य करपाच्या तांच्या सरकारच्या हेतूचेर भर दिला. बेंगळुरूत नम्मा मेट्रोच्या तिसऱ्या पावंड्याचे उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले. सुधारणा, कामगिरी आनी परिवर्तना वरवी भारताक विकसित देश करपाक तांच्या सरकारान उखलील्ल्या पावलांची तांणी वळेरी दिली.

२०१४ आदी भारत नाजूक १० देशांमदी आशिल्लो तेन्ना सावन हो प्रवास सुरू जालो. आता भारतीय अर्थव्यवस्था पाचव्या क्रमांकाची आनी नेटान वाडपी अर्थव्यवस्था आसा, मेट्रो रेल्वे पाच शारांसावन २४ शारांमदी वाडल्या आनी मेट्रो नेटवर्कच्या बाबतीत ती जागतिक पावंड्यार तिसरी सगळ्यात व्हड आसा अशी म्हायतीय प्रधानमंत्र्यांनी दिली. तांणी बेंगळुरू आनी बेळगाव मजगती वंदे भारत ट्रेन सेवेक पाचवो बावटो दाखयलो. प्रधानमंत्र्यांनी हेवेळार अमृतसर आनी कटरा आनी नागपूर ते पुणे मजगती वंदे भारत सेवांक व्हर्च्युअल पद्धतीन पाचवो बावटो दाखयलो.

## 40 मोदी फ्लेट

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीच्या बाबा खरक सिंग मार्ग हांगा संसद वांगड्यां खातीर नव्यान बांदिल्ल्या टायप-7 बहुमाळयेच्या फ्लॅटांचें उक्तावण

करतले. हे निमतान प्रधानमंत्री राबितो वाठारांत सिंदूरचे रोप रोयतले. आनी कामगार वर्गा कडेन संवाद सादतले आनी एका मेळाव्याक उलोवप करतले.

मांडवीय 110

देशभरात ४० हजारांपरस चड सुवातीनी फिट इंडिया संडे ऑन सायकल चळवळीन सात लाखां परस चड सहभागींक आकर्षित केला अशें राष्ट्रीय राजधानीत 'संडे ऑन सायकल फिट इंडिया' कार्यावळीत वाटेकार जातना मंत्री मनसुख मांडवीय हाणी सांगले. पंचायत प्रतिनिधींसयत ३५ व्या फिट इंडिया संडे ऑन सायकल तिरंगा रॅलीक पाचवो बावटो दाखयले उपरांत ते उलयताले. देशभरातल्यान ५० हजारांपरस चड गावांतल्या पंचायत प्रतिनिधींनी हातुंत वांटो घेवन ग्रामीण भारतात फिट इंडियाचो संदेश पातळायला, अशें तांणी म्हळे.

सायकलिंगच्या वेगवेगळ्या फायद्यांचेर ताणी भर दिलो जातुंत व्यक्तीची भलायकी तशेच पर्यावरणाची भलायकी हांचो आसपाव आसा.

फिट इंडियाचो संदेश पातळायताना, सायकलिंगाक येरादारीचे एक लोकप्रिय साधन करपाक फक्त, आयताराच न्हय तर दिसपट्या जीणेचो एक भाग म्हणून मनापासून सायकलिंग स्वीकारपाचे आवाहन मंत्र्यांनी नागरिकांक केले.

शिवराज सिंह चौहान - ९०

शेतकी मंत्री शिवराज सिंह चौहान आयज राजस्थानातल्या झुंझुनूत ३० लाखांपरस चड शेतका-यांक ३,२०० कोटी रुपयांपरस चड मोलाचे पीक विमा दावे वितरित करतले. हे दावे थेट लाव हस्तांतरण - डीबीटी वरवी शेतकारांच्या बँक खात्यात डिजिटल पद्धतीन जमा करतले अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगले. ह्या कार्यावळीवेळार, मध्य प्रदेशातल्या शेतकारांक १,१५६ कोटी रुपये, राजस्थानातल्या शेतकरांक १,१२१ कोटी रुपया, छत्तीसगडातल्या शेतकारांक १५० कोटी रुपया आनी हेर राज्यांतल्या शेतकारांक ७७३ कोटी रुपया थेट मेळतले. ह्या कार्यावळीत झुंझुनू, सिकर, जयपूर, कोटपुतली-बहरोड आनी हेर जिल्हयांतल्या शेतका-यांच्या व्हड आस्पावाची आस्त आसा, तर वेगवेगळ्या राज्यांतल्या लाखांनी शेतकार व्हर्च्युअल माध्यमातल्यान हातून वाटेकार जातले.

राहुल गांधी- ईसी - १४०

कर्नाटकच्या मुखेल वेचणूक अधिका-यांनी काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हांका २०२४ च्या लोकसभा वेचणुकीत मतदार घोटाळ्याच्या आरोपांसंदर्भात कागदपत्रा मागयल्यात तेखातीर तांका नोटीस जारी केल्या. शकुन राणी नावाच्या मतदारान वा हेर कोणीय दोन फावटी मतदान केल्याचो दावा करपी पुरावे सादर करचे अशें तातूंत म्हळा. सीईओ कार्यालयान केल्ल्या प्राथमिक तपासणीत शकुन राणी हांणी फकत एकूच फावट मतदान केले अशे दिसून आयला अशें कर्नाटकचे मुखेल

वेचणूक अधिकारी, सीईओ व्ही. अंबुकुमार हांणी काल जारी केल्ल्या नोटीसीत म्हळा.. नोटीसीत फुडे म्हळा, राहूल गांधींनी तांच्या अर्जात दाखयल्ले, टिक केल्ले कागदपत्र मतदान अधिकाऱ्यांनी जारी करुंक ना अशेंय सीईओ कार्यालयान केल्ल्या प्राथमिक तपासणेत दिसून आयला. ७ ऑगस्टाक नवी दिल्लीत जाल्ल्या राहूल गांधींच्या पत्रकार परिषदेउपरांत हे पाऊल उखलले. थंय तांणी कर्नाटकच्या महादेवपुरा विधानसभा मतदारसंघात व्हडा प्रमाणात मतदान चोरीचो आरोप केल्लो.

हेआदी, वेचणूक आयोगान राहुल गांधीं हांका नेमांप्रमाण औपचारिक घोषणा सादर करपाक वा फटीचे आरोप केल्याविशी देशाची माफी मागची अशें म्हणील्ले.

द्विवेदी 90

लष्करप्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी ऑपरेशन सिंदूरचे वर्णन एक धोरणात्मक, उच्च-पावंड्यावेली मोहीम म्हूण केला जातुंत लष्करी अचूकता आनी राजकीय स्पष्टता आसपावता. काल आयआयटी मद्रास हांगा विद्यार्थी आनी प्राध्यापकांक मार्गदर्शन करताना तांणी २२ एप्रिलाक पाकिस्तानस्थित आतंकवाद्यांनी पहलगामात केल्या भीरांकूळ आतंकवादी हल्ल्या उपरांतच्या काळात ऑपरेशनची कल्पना आनी अंमलबजावणी कशी केली हाचो उगडास काडलो. ऑपरेशनच्या नियोजन आनी अंमलबजावणीविशी दुर्मिळ माहिती दिताना ताणी सांगले, तिनुय सैन्य प्रमुखांनी निर्णायक कारवाईची आवश्यकता आसा हाचेर सहमती उक्तायली आनी तांका मार्ग थारोवपाचे पूराय स्वातंत्र्य दिले. अशा

प्रकारची राजकीय दिका आनी स्पष्टताय सैन्यान पयलेच फावट पळयली अशेंय ताणी म्हळे.

तुर्क 35

अस्तंत तुर्कस्तानांतल्या सिंदिर्गी हांगा 6.1 रिक्टर स्केलचो भूंयकांप जालो. इस्तांबुल आनी इझमिर सयत देशाच्या अस्तंत वाठारांतल्या जायत्या शारांनी भूंयकांप जाल्ल्याचें तुर्की आपत्ती आनी आपत्कालीन वेवस्थापन एजन्सीन सांगलां. तुर्की खबराकारांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण बालिकेसीर प्रांतांत भूंयकांपा उपरांत जायत्यो इमारती कोसळ्ल्यो.

आर एस एस शिबिर - ९०

समाजीक समरसताय वाडोवपा खातीर राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघ आपल्या शताब्दी जनसंपर्क अभियानाचो एक भाग म्हूण 12 सप्टेंबराक इंदूरांत समाजिक सद्भावना सम्मेलन घडोवन हाडटले. ब्रिलियंट कन्व्हेंशन सेंटरांत जावपी हे परिशदेंत मालवा वाठारांतले 180 परस चड जाती आनी समुदायिक फुडारी वांटो घेतले. समावेशी संवाद आनी सांस्कृतीक एकचार हांचेर हेवरवी भर दितले अशें संघान म्हळा. हे परिशदेचे अध्यक्षपद सरसंघचालक डॉ मोहन भागवत करतले. हे परिशदेंत आरएसएसच्या ‘पंच परिवर्तन’ चौकटीचेर भर दितले. परिशदे वेळार पांच

परिवर्तनकारी आदर्शांचेर संवाद जातलो - स्वदेशी जिणे पद्‌दत, कुटुंब प्रबोधन, पर्यावरण वेवस्थापन, नागरी शिस्त आनी समरसताय हाचो तातूंत.

हवामान -

फुडल्या सात दिसांत उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशांत व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. ह्या राज्यां खातीर खात्यान आयज ऑरेंज अलर्ट जारी केला. अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत आयज वेगवेगळ्या सुवातींनी वादळी पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. तेच बरोबर आयज दिल्ली, चंडीगढ, हरियाणा, पंजाब, बिहार, मध्य प्रदेश, तेलंगणा आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच बिहार, जम्मू-काश्मीर, लद्‌दाख आनी झारखंडांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी गडगडाटा वांगडा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

मुष्टियुध्द 60

बँकॉकात जाल्ल्या १९ वर्सा पिराय सकयल्ल्या आशियाई बॉक्सिंग चॅम्पियनशिप सर्तींत भारतीय बायला बॉक्सर निशा आनी मुस्कान हांणी भांगरा पदका मेळयली.

बेसबरो खेळ करुन तांणी आपली प्रभावी कुशळटाय दाखयली, जाल्यार हेर पांच जाणांनी रुप्या पदक मेळयलें. सर्तींत वांटो घेवपी धा बायलां मदल्या णव

मुष्टियुध्दयांनी दोन भांगरा, पांच रुप्या आनी दोन कांश्या पदकां मेळयला. चीन, कझाकस्तान, उझबेकिस्तान ह्या देशांच्या खेळगड्यां आड भारतान घटमूट आनी बेसबरो खेळ केलो.